*गोंय सरकार*

*म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें*

*पणजी गोंय*

*सरकारी पत्रक*

**आयुष मंत्र्याहस्तुकीं बस्तोडा हांगा मसंडभूंयेचे उकतावण**

ता. 20 जानेवारी 2020

केंद्रीय आयुष मंत्री श्री. श्रीपाद नाईक हांणी काल बार्देस म्हालातल्या बस्तोडा हांगा खासदार विकास येवजणेखाला बांदिल्ल्या मसंडभूंयेचे उकतावण केले.

उकतावणाच्या कार्यक्रमाक आमदार श्री. ग्लेन टिकलो, म्हापशेंचे नगरसेवक फ्रॅंकी कार्व्हालो, बस्तोडेचे सरपंच सावियो मार्टिन, पंच वांगडी सागर मालवणकर, रणजीत उजगांवकर, प्रतिक्षा मयेकर, सुनिता लोटलीकर, राजेश पिरणकर आनी हेर उपस्थित आशिल्ले.

ह्या वेळार उलयताना श्री. श्रीपाद नाईक हांणी बस्तोडा गांवात खासदार विकास येवजणेखाला मसंडभूंयेचे बांदकाम पूर्ण जाल्ले खातीर समाधान उकतावन खासदार विकास येवजणेतल्यान लोकांक चडांतचड साधनसुविधां उपलब्ध करपा खातीर आपले प्रयत्न आशिल्ल्याचे सांगून तांणी थळाव्या संस्थांच्या लोकप्रतिनिधींक विकासाचे प्रस्ताव दिवपाक सांगले.

श्री. ग्लेन टिकलो हांणी थळाव्या लोकांखातीर मसंडभूंय उपलब्ध जाल्ले खातीर समाधान उकतावन लोकांनी बस्तोडा गावच्या विकासा खातीर सहकार्य करपाची मागणी केली.

सुरवातीक कार्व्हालो हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो आनी श्री. उजगांवकर हांणी निमणे उपकार मानले.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2020/53

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA